आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :10/01/2025

राष्ट्रीय खबरो

6.30 PM

प्रवासी भारतीय समुदाय भारताचे खरे चित्र संवसारामुखार दवरता अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज सांगलें. वैजकी आनी तंत्रगिन्यान सयत सगळ्या मळार प्रवासी भारतीयानी उत्कृश्ट कामगिरी केल्या अशें ताणी सांगलें. राष्ट्रपतीनी भुवनेश्वरांत जाल्ल्या अठराव्या प्रवासी भारतीय दिस परिशदेंच्या समारोप सुवाळ्यात उलोवप केले. हे परिशदेंत ७५ देशांतल्या सुमार स हजार भारतीयांनी वांटो घेतिल्लो. राष्ट्रपतीनी तातूंतल्या 17 जाणांक वेगवेगळ्या मळार केल्ल्या उत्कृश्ट कामगिरी खातीर 'प्रवासी भारतीय सम्मान' भेटयलो.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी 2047 वर्सामेरेन विकसीत भारताखातीर सगळ्यो समस्या सोडोवपाची इत्सा आसा अशें स्पश्ट केलें. सरकारी येवजण्यांची शंबर टक्के अंमलबजावणी जावप गरजेचे अशें तांणी सांगले. मुखेल उद्देजक निखिल कामथ हांणी घेतिल्या मुलाखतींत ते उलयताले. राजकारणांत येस मेळोवपाक समर्पण, वचनबद्धताय, आनी लोकांखातीर वेळ दिवप गरजेचें आसा हाचेर ताणी भर दिलो .

विदेश वेव्हारमंत्री डॉ.s जयशंकर हाणी लैंगिक समानताय आनी बायलां सशक्तीकरण हे भारताच्या विदेश धोरण आनी आंतरराष्ट्रीय संबंदांतले अविभाज्य घटक आसात अशें सांगले. भुवनेश्वरांत चालू आशिल्ल्या प्रवासी भारतीय दिस परिशदेत ते उलयताले. समाजीक रचणूकेत लिंग आदारीत भेद कुटुंब पातळेवेल्यान सुरू जाता आनी ताचे परिणाम भलायकी, पोशण आनी शिक्षण अशा मुळाव्या साधनसुविधांच्या वांटपांत दिसून येतात अशे 'डायस्पोरा दीस - बायलांचें फुडारपण

आनी प्रभाव’ ह्या विशयाचेर उलयताना ताणी सांगलें. ह्या अधिवेशनांत आव्हानांक फुडो करून संवसारीक मळार जैत जोडपी बायलां फुडाऱ्यांचो भोवमान केलो.

केंद्र सरकार फुडल्या वर्सा सावन मेक इन इंडिया येवजणे खाला खाजगी कंपनींच्या सहकार्यान रेल्वे चाका तयार करतलें अशी म्हायती केंद्रीय रेल्वेमंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी दिली. तमिळनाडूच्या तिरुवल्लूरात दोन कंपनींच्या चाका निर्मणे विभागांक भेट दिल्या उपरात ते प्रसार माध्यमाकडेन उलयताले. हि चाकां देशातल्या रेल्वे गाडयां खातीर वापरतले आनी हेर देशांनीय निर्गत करतले अशेंय तांणी सांगलें. ताचेपयली तांणी चेन्नईतल्या इंटीग्रल कोच फॅक्टरीक भेट दिवन भारतीय रेल्वेच्या मुळाव्या साधनसुविधां उदरगतीचो नियाळ घेतलो. मध्यम आनी उण्या उत्पन्न गटांक दर्जेदार सेवा दिवपी नवीअमृत भारत रेल्वे सेवा बेगीनूच चालिक लायतले अशी म्हायती तांणी ह्यावेळार दिली

प्रभावी सरकारी धोरणां आनी उपक्रमांक लागून वर्स2047 मेरेन “विकसित भारताचे ” ध्येय साध्य करपाचे दिकेन भारत नेटान मुखार वता अशे केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री एल.मुरुगन हांणी सांगलें. कोल्लमतल्या अवनीश्वरमात एपीपीएम वेवसायीक उच्च माध्यमीक विद्यालयात ‘सुगाथा सूक्ष्मवणम’ कार्यावळीचें उक्तावण तांणी केले. सगेस्त कवी आनी पर्यावरणवादी सुगाथा कुमारी हिच्या 90व्या वाडदिसा निमतान केरळातल्या 126 विद्यालयानी इकरा हजार 340 रोपां रोवून तांकां श्रद्धांजली दिवप हो ह्या उपक्रमाचो हेत आसा. पर्यावरण आनी जैवविविधतायेच्या संवर्धनाखातीर सरकाराच्या वचनबद्धतेचेर तांणी भर दिलो.

उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हाणी प्रयागराजांत महाकुंभ 2025 खातीर आकाशवाणीचें खासा चॅनल कुंभवाणी सुरू केलें.तशेंच तांणी 'कुंभ मंगल धुन'चे उक्तावण केलें. महाकुंभ मेळा एकचाराचो संदेश दिता अशें तांणी सांगलें . ह्यावेळार प्रसार भारतीचे अध्यक्ष डॉ. नवनीत कुमार सहगल, मुखेल कार्यकारी अधिकारी गौरव द्विवेदी, दूरदर्शनचे महासंचालक कंचन प्रसाद ,आकाशवाणीचे महासंचालक डॉ. प्रज्ञा पालीवाल आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेची अधिसुचोवणी आयज जारी जाल्या उपरांत उमेदवारी अर्ज दाखल करपाची प्रक्रिया सुरू जाली. उमेदवारी अर्ज दाखल करपाची निमणि तारीख 17 जानेवारी आसा जाल्यार 20 जानेवारी मेरेन उमेदवारी अर्ज फाटीं घेवंक मुजत दवरला. 70 वांगड्यांची विधानसभेखातीर फुडल्या म्हयन्याच्या 5 तारखेक मतदान जातलें आनी 8 फेब्रुवारीक मतमेजणी जातली.

देशांतल्या जायत्या राज्यांनी शियाचे ल्हार आनीक खर जाला. दाट धुक्याक लागून नवी दिल्ली आनी एनसीआर वाठारांत दिसपट्ट्या जिणेंत आडमेळीं आयल्यात तशेच  दृश्यमानता उणी जावन रेल्वे, विमान आनी रस्तो येरादारीचेर परिणाम जाला. मजगती भारतीय हवामान खात्यान शियाचे ल्हाराखातीर पंजाब, हरियाणा, छत्तीसगड आनी उत्तर प्रदेशात ऑरेंज अलर्ट जाल्यार हिमाचल प्रदेशाखातीर यल्लो अलर्ट जारी केला.

इंडियन सुपर लीग फुटबॉल खेळात आयज सांजे साडेसात वरांचेर गुवाहाटीच्या इंदिरा गांधी एथलेटिक मैदानार नॉर्थईस्ट युनायटेड आनी पंजाब एफसी पंगडामदी खेल जातलो .

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवी परतून आयकात राष्ट्रीय खबरो फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर

---------